**आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्यो कलाकृतीं संग्रहालयाक दिवपाची मागणी**

ता. 26 सप्टेंबर 2025

आदिवासी संशोधन संस्थेन भारताच्या स्वातंत्र्यलढ्यात योगदान दिल्ल्या आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्यो अस्सल कलाकृती, स्मृतिचिन्हां आनी वैयक्तिक वस्तूंचे संकलन करपाचे काम सुरू केला. फर्मागुडी-फोंडा हांगा उबारपात येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिक संग्रहालयांत ह्यो कलाकृती, स्मृतिचिन्हां आनी वैयक्तिक वस्तूं प्रदर्शीत करतले.

जर खंयच्याय मनशाकडेन गोंयच्या आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकां संबंदीत अशां तरेच्या कसल्योय कलाकृती, कागदपत्रां, दस्तावेज, फोटो, पत्रां वा वैयक्तिक वस्तूं आसल्यार तांणी मुखार येवन त्यो आदिवासी संशोधन संस्थे कडेन हाडून दिवच्यो. हे योगदान आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांचो वारसो सांबाळून दवरपाक आनी तांच्या बलिदानाचो उगडास दवरपाक तशेंच फुडल्या पिळग्यांक तांच्या त्यागाची आनी शूरतायेची म्हायती जावपाक म्हत्वाचे थारतले.

आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकां संबंदीत कलाकृती, कागदपत्रां, दस्तावेज, फोटो, पत्रां वा वैयक्तिक वस्तूं गोंय राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळ, दुसरो माळो, दयानंद स्मृती इमारत, स्वामी विवेकानंद मार्ग, पणजी गोंय हांगा हांडून दिवच्यो वा दान करच्यो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/789

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.